Panaji

Regional News

14 April 2026,7.20pm

<u>आंबेडकर जंयती मुखेलमंत्री</u>

पणजे आयोजित डॉ.बाबासाहेब आंबेडकार हांच्या १३५ व्या जंयतीच्या कार्यावळीनिमतान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचा हस्तुकी आंबेडकर भवनाच्या बांधकामाचो आयज बुनयादी फातर वच्युर्अल पधद्तीन घातलो. पर्वरे वाठारात २,४,४४ चौखण मीटर जागेन हे आंबेडकर भवन उबारतले. भवनाच्य बांधकामाखातीर सरकार ६ कोटी रुपया खर्च करतले . फुडल्या बाबासाहेब आंबेडकर जंयती मेरेन ह्या वास्तुचे उक्तावण करपाची मोख दवरल्या अशे मुखेलमंत्र्यानी सांगला .

सुशिक्षित जांवन अर्थिक तशेंच डीजीटली सक्षम जावप आनी समाजाच्या उदरगतीखातीर संघटीतपणन वावरप महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यानी ह्या वेळार म्हणला. ह्या समाजातल्या गुणेस्त विद्यार्थ्यांक राश्ट्रीय पातळीवेल्या अभ्यासक्रमाचो लाव मेळचो म्हण गोंय technical educationच्य जोडपालवान खासा शिश्यावृत्ती दितले. विद्यार्थी दशेतल्या ह्या तरणाट्यांनी राश्ट्रीय पावंड्याचेंर शिक्षण घेवन वेगेवगळय मळार स्वतचो फुडार घडवचो अशे मुखेलमंत्र्यान सांगले. मागासवर्गीय समाजाच्य उदरगतीखातीर केंद्र सराकरान 53 लाख कोटी रुपयाची, जाल्यार राज्य सरकारान 20 कोटी रुपयाची अर्थिक तरतुद केल्याची म्हायती तांण दिली. तशेंच गोंयच्या ह्या समाजातल्या सरकारी येवजणेचे रिण घेतील्लय 512 जणांक एक रकमी रिणभरपाच्या येवजणे वरवी थाकाय, तशेंच 1,9,99 जणांक अर्थिक मजत दिल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिली . ह्यावेळार समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश शिरोडकर हांणी बाबासाहेब आंबेडकर हांणी दलितांच्या उदरगतीखातीर केल्लो संघर्ष मोलादिक आसा अशे म्हटले., तशेचं आयज जो सक्षम लोकशाय सयत भारत उबो जाला ताचे पुराय श्रेय संविधान बरोवपी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकार हांका वता अशे मुखार सांगले. पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकार हाणी , समाजातल्या प्रत्येक बरीक मनशांक न्याय, आणि समान हक्क मेळचो म्हण केल्ले काम महत्वाचे आसा अशे सांगले. ही कार्याळ गोंय समाज कल्याण खात्यान आयोजित केल्ली. कार्यावलीच्य सुरवेक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकार हांच्य पुतळयाक हार घालुन मुखेलमंत्री तशेचं हेर मानेस्तांनी आर्गो ओपली. कार्यावळीदरम्यान गुणेस्त विद्यात्यांचो भौमान जालो.

## नारी शक्ति वंदन

नारी शक्ति वंदन अधिनियम बायल आरक्षण विधेयक हो भारताच्या लोकशायेंतलो एक म्हत्वाचो कायदो, लोकसभा, विधानसभा आनी दिल्ली विधानसभेंत बायलां खातीर ३३% आरक्षण दिवपी भाजप सरकारान चालीक लायिल्लो हो इतिहासिक कायदो आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. .ह्या कायद्याक लागून राजकी निर्णय घेवपाक बायलांचो वांटो वाडटलो आनी 2029 मेरेन लोकसभेत 33 टक्के बायलांक आरक्षण मेळटले अशे तानी मुखार सांगले.

## 2४० राश्ट्रीय उजो पालोवपी दिस

Burch fire tragerdy सारख्यो घटना परत जावच्यो न्हय ,म्हण पर्यटन मळावेल्या वेवसायीका,नी तशेंच हेर उद्दजकांनी लेगीत उजो पालोवपाची यंत्रणा तशेचं हेर सुविधा उपलब्ध दवरप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हटला . सांगे आनी धारबांदोडा हांगा बेगीनुच अत्याधुनिक उजो पालोवपी दळाचे कार्यालय उभारतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ते राश्ट्रीय उजो पालोवपी दळाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.आता मेरेन ६५० आपदा मित्र आनी आपदा सखी प्रशिक्षित केल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिल्या. राज्यात अत्याधुनिक यंत्रणेसयत उजो पालोवपी दळ घटमुट कारपाची मोख राज्य सरकार दवरता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. अंदु सुरक्षित शाळा, हॅस्पिटल, तशेंच उजो पालोवपी सुसज्ज यंत्रणेवरवी उजाच्य घडणुकाविरयत समाज ह्य संक्लपनेचेर राश्ट्रीय उजो पालोवपी दिस देशभर पाळतात.

2025-2026 वर्सात, आतामेरेन उजो पालोवपी दळाक ८,०२१ उजो पालोवपी घडणूकीच्या थळार सेवा दिल्या.हांतुल्ले २,९४२ घडणुक थळांचेर वचून उजो पालयलो. हांतुल्ले ५७९ आप्तकालिन प्रसंग आशिल्ले. जाल्यार ह्या काळातं १६५ लोकांचे जीव आनी ८७४ जनावरांचे जीव उजो पालोवपी दळांन वाचयल्यात. अशी म्हायती गोंय उजो पालवपी दळ आनी आपत्तकालिन सेवा दळ संचालनालयाचे संचालनालय नितीन रायकर हांणी दिल्या. गोंय उजो पालोवपी दळ आनी आप्तकालिन सेवा संचालनालयान गुजरात, महाराश्ट्र, दिल्ली, राजस्थान, बिहार, केरळ, दमण आनी दिव , जम्मु आनी काश्मिर हांगच्या उजो पालोवपी दलांच्य जवानांक प्रशिक्षण दिल्याची म्हायती तांणी ह्यावेळार दिली.

कार्यावळीची सुरवेक, उजो पालोवपी दळांच्या जवानांच्या पेरडीचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी निरीक्षण केले. तशेंच हुतात्मा जाल्या जवानांक मुखेलमंत्र्यान आर्गां ओपली. राश्ट्रीय उजो पालोवपी दिसाच्या फांटभुयेरं घेतिल्लया सर्तीच्या जैतिवंतांक इनामा भेटयली. बरे काम करपी ,उजो पालोवपी दळाच्या कर्मचाऱ्यांचो मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी भौमान जालो.

## मुख्यमंत्री कुशळटाय येवजणे

सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालनालयान मुख्यमंत्री कुशळटाय येवजणे खाला ल्हान मुजतीच्या वेगवेगळया कुशळटाय अभ्यासक्रमां खातीर प्रवेश प्रक्रिया सुरू केल्या. तरणाट्यांक रोजगार मेळोवन दिवप आनी उद्देजकतेक चालना दिवप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा. ह्या प्रशिक्षणांत तंत्रीक, डिजिटल, सृजनशील आनी शेतकी क्षेत्रांचो आस्पाव जातलो. एलईडी टीव्ही दुरुस्ती, मोबायल दुरुस्ती, डिजिटल मार्केटिंग, ग्राफिक डिझायनिंग, सोलर पॅनल देखरेख, किरकोळ विक्री आनी मुळावी फोटोग्राफी अशा वेगवेगळया कुशळटायेंत प्रशिक्षण दितले. अभ्यासक्रमाची पात्रताय संबंदीत अभ्यासक्रमा प्रमाण 5 वी पास ते 6 वी पास आसा. शिक्षणीक फाटभूंय कितेंय आसूं, वेगवेगळया गटांतल्या तरणाट्यांक ही संद मेळटली. इत्सूक उमेदवारांनी 30 एप्रील मेरेन अर्ज सादर करपाक जाय. केलां.राज्यांतल्या ह्या उपक्रमाक लागून कुशळटायेचेर आदारिल्ली रोजगाराची संद वाडटली असो विस्वास सरकारान उक्तायला.

## बाल संस्कार शिबिर

बोरी हिंदू संघटाना, प्रतिभा फ्रेंड सर्कल आनी श्री साईबाबा देवस्थान हांणी जोड पालवान वर्सुकी पद्दती प्रमाण अंदूंय बोरी आनी भोंवतणच्या विद्यार्थ्यां खातीर बाल संस्कार शिबिर आयोजीत केला. खेळ, देशभक्ती गीत, दिंडी प्रशिक्षण, स्तोत्र पठण, शिल्प, अभंग, आरती, योग अशे संस्कृताय तिगोवन दवरपी विशय ह्या शिबिरांत आसपावतात. शिबिरा खातीर शुल्क घेवचे नात, पूण ह्या शिबिरा खातीर अर्थीक योगदान दिवपाची इत्सा आनी तांक आशिल्ल्या पालकांनी वा हेर दात्यांनी आपलो वांटो नक्कीच दिवचो अशें आयोजकांनी कळीत केलां. फाल्यां म्हळयार 15 एप्रिलाक सुरू जावन हे शिबीर 25 एप्रिल मेरेन बोरी प्रतिभा सर्कल सभाघरांत चलतले अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

## सागर नाईक मुळे

गोयचे कावी कला प्रशिक्षक सागर नाईक मुळे हांका राष्ट्रपती भवनातल्या कलाकार निवासी कार्यावली खातीर निमंत्रित केल्यात . १५ ते २० एप्रिल या काळात राष्ट्रपती भवनात आयोजित कार्यावळीन ते वाटेकर जातले ..लुप्त जावापाचा वाटेर आशिल्ल्या कावी कलेक नवी संजीवनी आणि पुनर्वैभव प्राप्त करून दिव्पाखातीर आडपई-फोंडा हंग्चा सागर नाईक मुळे हाणी गोयात खुपकडेन प्रशिक्षण कार्यशाळा घेतल्यात .

## खेळ

गोवा क्रिकेट संघटनेन आयोजित केल्या गोवा प्रीमियर लीग एका दिसाची किकेत सर्त २२ ते ३० एप्रिल ह्या कलन जातली .ह्या सर्तीतले खेळ पर्वरी क्रिकेट अकादमी आनी सांगे क्रिकेट अकादमीच्या मैदानार जातले. दर दिसा दोन खेळ जातले .

## हवामान

भारतीय हवामान विभागाच्या, पणजी केंद्रान गोयाखातीर फुड्ल्ले ७ दिसाखातीर हवामान अंदाज जाहीर केला आहे. या अंदाजाप्रमाण , राज्यात १५ आणि १६ एप्रिलाक कडक वत आणि दमट हवामान आसतले . उत्तर आणि दक्षिण ह्या दोन जिल्ह्यांखातीर १५ आणि १६ एप्रिलाक Yellow Alert जारी केला .. दोन दिस उष्णता आणि आर्द्रता वाढल्यार , नागरिकांना उषणतायेचो त्रास जाऊ शकता.तापमानात सामान्यपेक्षा १.६°C ते ३.०°C मेरेन वाढ जाव शकता खास करून उत्तर गोयच्या काय वाठारानी तापमानाचो पारो वाढपाची चिन्ह आसात..

ह्या फाटभुयेर लोकांनी स्वतःची काळजी घेवची अशे सुचयला.

१. भरपूर उदक पिवप आणि स्वतःक हायड्रेटेड दवरचे .

२. दनपारचा कडक वतान भोवचे न्हू

३. हलकें आणि सुती कपडे वापरचे